पणजी

राष्ट्रीय खबरो

18/07/2025 6.30 PM

प्रधानमंत्री मोदी हांणी दनपारां अस्तंत बंगालांतल्या दुर्गापूरांत 5 हजार कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचो बुन्यादी फातर घालो आनी काय प्रकल्पचे उक्तावण केंले. ह्या प्रकल्पांक लागून ह्या वाठारांत जोडणी वाडटली, गॅस आदारीत येरादारी वाडटली आनी गॅस आदारीत अर्थवेवस्थेक चालना मेळटली अशें ताणी म्हटला. दुर्गापूर हें फकत स्टील सिटी न्हय तर भारताच्या कामगारांचें एक मुखेल केंद्र जावन देशाच्या उदरगतींत म्हत्वाची भुमिका साकारल्या अशें ताणी मुखार म्हळा.

ताचे पयली ताणी बिहारांतल्या मोतिहारींत 7हजार 200 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचो बुन्यादी फातर घालो आनी काय प्रकल्प राष्ट्राक समर्पित केले.हातूंत रेल्वे, रस्ते, ग्रामीण उदरगत, नुस्तेमारी, इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रगिन्यान ह्या मळावेल्या प्रकल्पांचो आस्पाव जाता. बिहारांतल्या तरणाट्यांक रोजगार दिवपाविशी तांणी सांगलें

देशांतल्या तरणाट्यांक रोजगार दिवपा खातीर केंद्र सरकार एक लाख कोटी रुपया खर्च करतलें अशें तांणी मुखार सांगलें.

अमेरिकेन पहलगामांत जाल्ल्या आतंकवादी हल्ल्या फाटल्यान आशिल्ल्या द रेसिस्टन्स फ्रंट गटाक आतंकवादी संघटना आनी खासा नियुक्त जागतीक आतंकवादी संघटना म्हूण घोषित केलां अशें अमेरिकेचे विदेश सचीव मार्को रुबियो हांणी निवेदनांत म्हणलां. टीआरएफ हो लश्कर-ए-तैबा प्रेरीत गट आसा. मजगती अमेरिकेच्या ह्या निर्णयाक भारतान येवकार दिला. हाका लागून आतंकवादा आडच्या झुजांत भारत-अमेरिका सहकार्य आनीक घटमूट जालां अशें विदेश मंत्री डॉ.एस जयशंकर हांणी सोशल मिडियाचेर सांगलें.

केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी आयज नोयडात ‘इंडिया इंटरनॅशनल मूवमेंट फॉर द युनायटेड नेशन्स’ परिशदेचें उक्तावण केलें. अमृत कालाखातीर पंच प्राणखाला प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी कल्पना केल्ल्या प्रमाण 2047 मेरेन विकसीत भारत उबारपा खातीर तरणाट्यांनी सक्रीयपणान योगदान दिवपाचो उलो ह्यावेळार ताणी मारलो.

आधुनीक म्हामार्ग हे प्रगतीची जिवीतरेखा आसात, उदरगतीक चालना दितात आनी समाजांक जोडटात अशे केंद्रीय मंत्री हर्ष मल्होत्रा हांणी सांगलें. संवसारीक दर्ज्याची रस्त आनी येरादारी मुळावी बांदावळ बांदपाक सरकार बंदील आसा अशे ताणी मुखार सांगला. फाटल्या 11 वर्सांत सरकारान शारांक जोडपाक, समाजांक सशक्त करपाक आनी म्हामार्ग बांदपाच्या माध्यमांतल्यान अपूर्व गतींत उदरगत करपाक खूब श्रम घेतल्यात अशे आयज दिल्लींत जाल्ले रस्ते आनी म्हामार्ग शिखर सभेंत मार्गदर्शन करतना ताणी सांगलें.

सृजनशील अर्थवेवस्थेंत काम करपाची आकांक्षा आशिल्ल्यांक साधनां आनी प्रशिक्षण दिवपाक केंद्र सरकार बांदिल आसा अशें म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें. भारताचे सृजनशील अर्थवेवस्थेक उर्बा दिवपा हेतान मुंबयच्या एनएफडीसीच्या आवारांत भारतीय सृजनशील तंत्रज्ञान संस्थच्या कॅम्पसाचें उक्तावण करताना ताणी सांगलें

जागतीक सृजनशील तंत्रगिन्यानांत भारताची तांक वाडोवपाचेच्या दिकेन म्हत्वाचें पावल आसा.. ह्या कार्यवळीक मुखेल सोयरो म्हूण महाराष्ट्राचे मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस हाजीर आशिल्ले. मे म्हयन्यांत केंद्र सरकारान घेतिल्ल्या वेव्स उपक्रमाक लागून सृजनशील अर्थवेवस्थेक चालना मेळळया अशे मत मुख्यमंत्र्यांनी उक्तायले आनी मुंबयंत आयआयसीटी सारकी संस्था सुरू केल्ल्या खातीर केंद्र सरकाराचे उपकार मानले.

भारतीय नौदळान आयज विशाखापत्तनमांत जाल्ल्या सुवाळयांत पयलें स्वदेशी डायविंग सपोर्ट व्हेसल आयएनएस निस्ताराचे जलावरण केंले. हिंदुस्तान शिपयार्ड लिमिटेड कंपनीन तयार केल्ल निस्तार हे भारताच्या आत्मनिर्भरतेच्या प्रवासांतलो एक मैलाचो फातर थार्तले .

भारतीय हवामान खात्यान आयज राजस्थान आनी दर्यादेगेवेल्या कर्नाटक, केरळ, माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकाल, अस्तंत मध्य प्रदेश आनी अस्तंत उत्तर प्रदेशाचेर आयज उटागराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.

भारतीय ग्रॅण्डमास्टर अर्जुन एरिगायसी हो लास वेगासांत जाल्या फ्रीस्टाइल ग्रॅण्ड स्लॅमांत बुध्दिबळ सर्तीच्या सेमी फायनलींत पावलं घालपी पयलो भारतीय खेळगडो THARLO .